01.12.2025 @ 7.25 AM

MKB 180

काल आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात आपले विचार मांडताना प्रधान मंत्री मोदीनी म्हणले की, कृषी क्षेत्रात एक व्हड पांवडो गाठत भारतान ३५७ दशलक्ष टन अन्नधान्य उत्पादनाचो ईतिहासिक विक्रम प्रस्थापित केला.

प्रधान मंत्र्यांनी गोंयच्या गिरेस्त नौदलाच्या दायजाचेर उजवाड घालो आनी भारताच्या नौदलाच्या विमान येरादारीच्या उत्क्रांतीचे दर्शन घडवपी एका अद्‌वितीय संग्रहालयाकडे लक्ष वेधले. गोयात घडोवन हाडील्याआयरनमन 70.3 गोवा 2025 सर्तीत सहनशक्ती, उमेद आनी जागतीक सर्त एकठांय पळोवक मेळली.ह्या कठीण ट्रायथलॉनांत एकतीस देशांतल्या तेराशें वयर खेळगड्यांनी वांटो घेतिलो. प्रधान मंत्र्यांनी आयरनमन सर्तीचो उल्लेख करून संवसारीक पांवड्यावेल्या खेळां सर्तीचें केंद्र म्हूण गोंयची वाडत आशिल्या नामनेची तोखणाय केली.

डिसेंबराच्या 2 तारखेक काशींतल्या नमो घाटाचेर सुरू जावपी चवथ्या काशी-तमिळ संगमाचो उल्लेख करून मोदी हांणी सांगलें की ह्या वर्साच्या कार्यावळीचो विशय खूब मनोरंजक आसा: तमिळ शिकात - तमिळ करकलम. काशी-तमिळ संगम तमिळ भाशे कडेन जोडिल्ल्या सगळ्यां खातीर एक म्हत्वाची माची जाल्या अशें तांणी सांगलें.

तशेंच इसरोन आयोजीत केल्ल्या अनोख्या ड्रोन सर्तीचोय उल्लेख तानी केलो, जंय देशांतले तरणाटे मंगळार अशील्ल्या सारक्या परिस्थितींत ड्रोन उडयपाचो यत्न करताले.

रश्मी/गणेश 120

जिल्हा पंचायत वेंचणुके खातीर भारतीय जनता पक्षान 19 उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर केल्या. हातूत उत्तर गोंयचे 13 जाल्यार दक्षिण गोंयच्या 6 मतदारसंघांच्या उमेदवारांचो आस्पाव आसा. 20 डिसेंबराक जावपी जिल्हा पंचायत वेंचणूके खातीर आचारसंहिता लागू जाल्या. सोमारसावन उमेदवारी अर्ज स्वीकारपाक सुरवात जातली. आप तशेच भाजप उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर जाल्या. कॉंग्रेस, गोवा फॉरवर्ड आनी आरजी या विरोधी पक्षांची युती जावपाची आसा. उमेदवार जाहीर जाल्यान जिल्हा पंचायत वेंचणुकेच्या प्रचारात नेट आयला.

महेश 120

भारताच्या संविधान दिसा निमतान राज्याच्या सहकारान जांबावलींतल्या दामोदर देवळाच्या आवारांत गोंय राज्य बायलां आयोग, तुला समाज कायदेशीर ट्रस्ट - गोंय आनी आदि भक्त परिषद - गोंय हांणी ‘जनसुनवाई’ (मुक्त कायदेशीर समुपदेशन) नांवाचो खाशेलो कार्यक्रम घडोवन हाडलो. राज्याचे ॲडव्होकेट जनरल देवीदास पंगम मुखेल सोयरे आशिल्ले.

रश्मी/गणेश 40

जिल्हा पंचायत वेंचणुके खातीर भारतीय जनता पक्षान 19 उमेदवारांची पयली वळेरी जाहीर केल्या. हातूत उत्तर गोंयचे 13 जाल्यार दक्षिण गोंयच्या 6 मतदारसंघांच्या उमेदवारांचो आस्पाव आसा. 20 डिसेंबराक जावपी जिल्हा पंचायत वेंचणूके खातीर आचारसंहिता लागू जाल्या. उमेदवार जाहीर जाल्यान जिल्हा पंचायत वेंचणुकेच्या प्रचारात नेट आयला.

रश्मी/गणेश ३0

आता मेरेन वट्ट ९६.५ टक्के गणना फॉर्म डिजिटल केल्यात. वट्ट 11.85 लाख मतदारांतले 10.55 लाख गणनेचे अर्ज मेळ्ळयात; फकत 40 हजार अर्ज भरपाचे उरल्यात; अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 4 डिसेंबर आसा.

स्पोर्ट्स 20

पणजी मोर्निंग स्टार्स क्लब आणि धेंपो रॉयल्स हांचे वतीन तिसरी अखिल गोवा आंतर शालेय निमंत्रित विष्णू सिनाय धेम्पे स्मृती टेबल टेनिस सरत १४ डिसेम्बराक जातली

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३२.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान १९ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.